# <u>नुस्तेंमारी वेवसाय प्रशिक्षण अभ्यासक्रम</u>

ता. 24 ऑगस्ट 2021

नुस्तेंमारी खात्यान एला-धावजी, पोरण्या गोंयच्या नुस्तेंमारी प्रशिक्षण केंद्रातल्या स म्हयन्यांच्या नुस्तेंमारी प्रशिक्षण अभ्यासक्रमा खातीर अर्ज मागल्यात. सप्टेंबर 2021 ते फेब्रुवारी 2022 ह्या काळांत हो अभ्याक्रम घेवपात येतलो.

नुस्तेमारी बोट चलोवप, मरिन डिजेल इंजिनाची दुरूस्ती करप, आधुनिक जाळे विणप, नुस्त्याची साठवण आनी वेपार, नुस्तेमारी आनी पेंवपाच्या प्रशिक्षणाचो अभ्यासक्रमात आस्पाव आसा.

कमीत कमी आठवी पास आनी 18 ते 35 वर्सां पिराये मजगतीचे उमेदवार प्रवेशाखातीर पात्र आसात. अनुसुचीत जाती आनी जमातीतल्या उमेदवारांक तशेंच दर्यात वचपाचो अणभव आशिल्ल्या नुस्तेंमारी करपी समाजातल्या युवकांक प्राधान्य दिवपात येतले.

अभ्यासक्रमाक प्रवेश घेवपी उमेदवारांक म्हयन्याक एक हजार रूपया विद्यावेतन आनी नुस्तेंमारी ट्रिपीखातीर डी.ए. म्हुण प्रशिक्षणार्थ्यांक दिसाक शंभर रूपया फारीक करतले.

इत्सूक उमेदवारांनी खात्याच्या www.fisheries.goa.gov.in ह्या वेबसायटीवयल्यान अर्ज डावनलोड करून घेवचे. पुराय भरिल्ले अर्ज स्विकारपाची निमाणी ता. 30 ऑगस्ट 2021 आसा. चड म्हायती खातीर नुस्तेंमारी अधिक्षक, नुस्तेंमारी खातें, पणजी ( फोन. नं. 0832-2224838 ) चेर संपर्क करचो वा email: dir-fish.goa@nic.in चेर भेट दिवची

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/722

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji